आकाशवाणी पणजीच्या
प्रादेशिक खबरो

Date :11/02/2026 7.20 pm

मुखेल खबरो

- दक्षीण गोंय जिल्हो हॉस्पिटल, काणकोण, केपेची हॉस्पिटला तशेच उपजिल्हो हॉस्पिटलात दोतोर, नर्सी तशेच हेर कर्मचाऱ्यांची भरती म्हयन्याभीतर करून सादन सुविदा तयार जातल्यो, अशें मुख्यमंत्रांनी सांगलां

- जीव्हीके ईएमआरआय ग्रीन हेल्थ सर्विसेस कंपनीन चलयल्ल्या 108 एम्ब्युलन्स सेवांत सगळ्यो सरकारी आॅम्ब्युलन्स विलीन करतले अशें भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें

- वाळपयच्या आधुनिक उजो पालावपी केंद्राच्या माध्यमातल्यान गोंय सरकार नव्यो आणि आधुनिक सुविधा उपलब्ध करून दिवपाखातीर यत्न करता अशे मुख्यमंत्रांनी म्हणला

- गोंयच्या मांड संस्कृतीचें पुनर्जीवन, सांबाळ आनी संरक्षणा खातीर सरकारी येवजणे खाला, राज्यभरांतल्या मांड पंगडांची नोंदणी करपा खातीर अर्ज मागयल्यात

दक्षीण गोंय जिल्हो हॉस्पिटल, काणकोण, केपेची हॉस्पिटला तशेच उपजिल्हो हॉस्पिटलात दोतोर, नर्सी तशेच हेर कर्मचाऱ्यांची भरती म्हयन्याभीतर करून सादन सुविदा तयार जातल्यो, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे फुडारपणा खाला पर्वरी मंत्रालयात बुदवारा हॉस्पिटल्यांच्या स्थितीविशी बसका जाली. भलायकी मंत्री विश्वजित राणे, दक्षिण गोंयांतले संबंधीत आमदार आनी भलायकी खात्याचे अधिकारी बसकेक हाजीर आशिल्ले. दक्षिण गोंय जिल्हो हॉस्पिटला सयत काणकोण आनी केपेचे हॉस्पिटल तशेच फोंडेच्या उपजिल्हो हॉस्पिटलातल्या सुविधांचो नियाळ बसकेत घेतलो. ह्या हॉस्पिटलांनी आनीक कसल्या सुविदांची गरज आसा, ताचेर चर्चा जाली. गावगिऱ्या वाठारांनी बरेच खेपो वेळांत ॲम्बुलन्स पावा ना. हाचेर उपाय म्हूण ॲम्बुलन्सी वाडोवपाची गरज आसा. सगळ्या सरकारी हॉस्पिटलांच्यो ॲम्बुलन्सी 108 सेवेकडेन जोडटले, अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिली.

आता मानसिक ताण हे फकत जाणट्यांक जावपी दुयेस न्ही, जाल्यार तरणाट्यांक सुध्दा मानसिक ताण येता, तातुंल्यान मानसिक भलायकी इबाडपी दुयेसा जातात, ताका लागुन असा दुयेसाचेंर मात करपाक गोंय भलायकी खाते काम करता अशे भलायकी मंत्री विस्वजीत राणे हांणी म्हणला. संगथ ही बिगर सरकारी संघटना आनी गोंय भलायकी खात्याच्या जोडपालवान मानसिक भलायकी घटमुट दवरप महत्वाचे ह्या विशयाचेंर राज्य स्तरीय कार्यावळीचे बांबोळे गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाच्य परीशद घरात आयोजन केल्ले. त्यावेळार भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे उलयताले. मानसिक ताणाच्या ह्या दुयेसाचेंर उपचार दिवपाखातीर दोतोर, तशेचं समुउपदेशकांचो एक खासा टीम, असा दुयेंतीखातीर खासा कॉल सेंटर यंत्रणा, राज्य सरकारान चालीक लायला. हाका लागपी आनीक प्रशिक्षित मनीसबळ सरकार नेमतलो अशे भलायकी मंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.

वाळपयच्या आधुनिक उजो पालावपी केंद्राच्या माध्यमातल्यान गोंय सरकार नव्यो आणि आधुनिक सुविधा उपलब्ध करून दिवपाखातीर यत्न करता. हे फकत फायर स्टेशन नासून ट्रेनिंग इन्स्टिट्यूट म्हण ताचो वापर जातलो. साडेसात कोटींच्या या प्रकल्पाच्या माध्यमातल्यान कसलेय आपत्कालीन परिस्थितीत फायर स्टेशनाचो उपयोग करून घेवपाखातीर सरकार कटीबद्ध आसा. वाळपय हो सत्तरी तालुक्यातलो एक भाग आसा. सत्तरी तालुको एक सुंदर आणि सोबीत म्हणून नामनेक पावला. सत्तरीतली जंगलां आनी जंगली संपत्तीचे रक्षण करपाखातीर आम्ही मुखार सरपाक जाय कारण सैमाचो समतोल आणि संवर्धन केल्यार मुखावेली पिढीक आमी एक बरी देणगी दिवक शकतले अशें मत मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाणी उक्तायले. सत्तरी तालुक्यातल्या वाळपयत आयज मॉडर्न फायर स्टेशनच्या लोकार्पण सोहळ्यात ते उलयताले. ह्यावेळार त्यांचे सांगतान आमदार तशेच भलायकीमंत्री विश्वजीत राणे, वाळपय नगराध्यक्ष ,वाळपय चे दोन्ही जिल्हा पंचायत वांगडी,उजो पालावपी दलाचे संचालक नितीन रायकर आनी हेर मानेस्त हजर आशील्ले. भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हाणीं आपल्या उलोवपांत सांगलें की सत्तरीतल्या दोन्ही मतदार संघाच्या सर्वांगीण उदरगती खातिर वाळपयचो आमदार म्हणून आपुण तशेच पर्या मतदार संघाचे आमदार म्हणून डॉक्टर देविया राणे कटिबद्ध असात. या फायर स्टेशनच्या माध्यमातून जनतेक बरी सेवा दिवपाखातीर सरकार कटीबद्ध आसा अशें मत ताणीं उक्तायलें. अशा सरकारी प्रकल्पांक जनतेन सदाच सहकार्य करपाची गरज आसा अशें मंत्री राणे हाणीं सांगले.

मडगांवच्या एमएसएमई उदरगत कार्यालया वतीन पी.एम.विश्वकर्मा येवजणे खाला राज्य पांवड्यावेलें प्रदर्शन आनी वेपार मेळावो फोंडाच्या अग्यार मैदानाचेर 11 आयज्सावन सुरु जाला .हे प्रदर्शन 15 फेब्रुवारी मरेन चाल्तले .. आयज ताचें उक्तावण जालें.ह्या वेळार मुखेल सोयरे आशिल्ले मानादीक आदले खासदार श्री नरेंद्र सावाईकर, डीएचटीसीचे संचालक- श्री शगुन वेलीप, फोंडा नगरपालिकेचे उपाध्यक्ष- श्रीमती एस. दीपा कोलवेकर, आनी एसबीआय शाखेचे श्री अमित

प्रकाश, पी.एम.विश्वकर्मा येवजणेचे संचालक श्री एम.के. मीना आनी उपसंचालक श्री डी.आर. जोहरी आनी ताचे कारागीर भाव-भयणी, आनी सहकारी उद्देजक हाजीर आशिल्ले. आमच्या देशाच्या पारंपारीक कारागिरी, कुशळटाय आनी आत्मनिर्भर भारताचे दृष्टिकोणक प्रोत्साहन दिवपाखातीर हो एक  यत्न आसा

गोवा साधन सुविधा उदरगत विकास महामंडळ (जीएसआयडीसी )च्या अंतर्गत दिवचल शहरात चालू आशिल्या विंगड विंगड प्रकल्पांची पळोवणी थळावे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हाणीं हालीच केली..gsidc अंतर्गत दिवचल शरात   कदंबा बस स्थानक ,प्रशासन इमारत उजो पालावपी दल इमारत तशेच हेर प्रकल्प चालू आसात.

साखळेच्या सामुदायिक भलायकी केंद्राच्या अंतर्गत वीर्डी साखळी हांगसर आसलेल्या उपभलायकी केंद्रात फालया 12 फेब्रुवारी 2026 या दीस भलायकी शिबिराचे आयोजन केला. सकाळी नऊ ते धनपारा एक वरामजगतीं जावपी या शिबिरात आयुर्वेदिक, होमिओपॅथिक तशेच हेर सर्वसाधारण भलायके संदर्भात सुविधा मिळटल्यो अशें सामुदायिक केंद्रान कळीत केला.

गोंयच्या पारंपरीक मांड पंगडांची, प्रमाणबद्द नोंदणी करून गोंयच्या पुरातन सांस्कृतीक दायजाचो, सांबाळ करपाक आदार करपाच्या हेता खाला, गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालक मंडळान "गोंयच्या मांड संस्कृतीचें पुनर्जीवन, सांबाळ आनी संरक्षणा खातीर सरकारी येवजणे खाला, राज्यभरांतल्या मांड पंगडांची नोंदणी करपा खातीर अर्ज मागयल्यात. इत्सुक मांड पंगडांनी पुराय भरिल्ले आपले अर्ज 20 फेब्रुवारी मेरेन कला आनी संस्कृती संचालक मंडळान, संस्कृती भवन, पाटो-पणजी हांगा सादर करपाक जाय.

गोंय विधिमंडळ सचिवालय, पोरवोरी आनी गोंय विधिमंडळ मंचाच्या सहकारान  विद्यार्थी संसद सर्तघडवून हाडला हि सरत  13 ते 21 फेब्रुवारी मजगती गोंयच्या विधानसभा संकुलांतल्या पीएसी-पीयूसी कक्षांत आयोजीत केल्या.विद्यार्थीत आत्मशिस्त, अभिव्यक्ती हक्क, दुसऱ्याच्या मतांविशी सहिश्णुताय, सुदारीत वादविवाद आनी लोकशाय जिणेतल्या जायत्या गुणांची ओळख करूनदिवपा खातीर ही सर्त घडोवन हाडल्या. विद्यार्थी संसद सर्तीत, 2026 वर्सा गोंय राज्यांतलीं वट्ट 19 म्हाविद्यालयां वांटो घेतलीं.विद्यार्थी संसद सर्त 2026 चो उक्तावण सुवाळो 13 फेब्रुवारी 2026 दिसा सकाळीं 10.30 वरांचेर सभापती डॉ गणेश गांवकार हांच्या हाजिरेंत जातलो.

मांडोवींतल्या नव्या प्रस्ताव कॅसिनोक हरकत घेवपा खातीर  आयज  पणजेचे लोकानीं बंदर कॅप्टन खात्याक भेट दिली .मांडोवी न्हंयांत प्रस्तात्वीत आशिल्ल्या नव्या, व्हडल्या कॅसिनोक लागून समस्या आनीक वाडटल्यो अशें सांगून ह्या पंगडान हेखातीर विरोध केलो.मजगती गर्दी वेवस्थापन उपाय येवजणेचो एक भाग म्हूण खातें बेगीनूच कॅसिनोक भेट दिवपी पर्यटकांचो

आकडो पळोवपा खातीर डिजिटल ॲप्लिकेशन सुरू करतलें अशें बंदर कॅप्टन ऑक्टाव्हियो रॉड्रिगीसा हाणी सांगलें.

पणजी म्हापालिकेची वेंचणुक आपलेच पॅनेल जिखतले असो विस्वास महसुल खात्याचे मंत्री तशेचं पणजेचे बाबुश मोन्सेरात हांणी व्यक्त केला. हे फावंट 50 टक्के नव्या तरमाट्या उमेदवारांक उमेदवार दवरतलो अशीय म्हायती तांणी दिल्या. वेंचणुकेच्य फांटभुयेंर नेटान तयारी सुरु जाला. आमच्या पॅनला आड हेर खंयच्य पक्षाचे पॅनेल उबे रावता , तांची चिंता आपणाक ना वेंचणुकेत अशे स्पर्धक पॅनला आसप गरजेचे.मात ही वेंचणुके लेगीत म्हजेच पॅनल जिखतले असो विस्वास मंत्री बाबुश मन्सेरात हांणी व्यक्त केला.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान ३2.2 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २०.८ औंश सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३१.९ औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २०.४ औंश सेल्सिअस नोंद जाला तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें आसतले.

एक फावट काय मुखेल खबरो

- दक्षीण गोंय जिल्हो हॉस्पिटल, काणकोण, केपेची हॉस्पिटला तशेच उपजिल्हो हॉस्पिटलात दोतोर, नर्सी तशेच हेर कर्मचाऱ्यांची भरती म्हयन्याभीतर करून सादन सुविदा तयार जातल्यो, अशें मुख्यमंत्रांनी सांगलां
- जीव्हीके ईएमआरआय ग्रीन हेल्थ सर्विसेस कंपनीन चलयल्ल्या 108 एम्ब्युलन्स सेवांत सगळ्यो सरकारी आॅम्ब्युलन्स विलीन करतले अशें भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें
- वाळपयच्या आधुनिक उजो पालावपी केंद्राच्या माध्यमातल्यान गोंय सरकार नव्यो आणि आधुनिक सुविधा उपलब्ध करून दिवपाखातीर यत्न करता अशे मुख्यमंत्रांनी म्हणला
- गोंयच्या मांड संस्कृतीचें पुनर्जीवन, सांबाळ आनी संरक्षणा खातीर सरकारी येवजणे खाला, राज्यभरांतल्या मांड पंगडांची नोंदणी करपा खातीर अर्ज मागयल्यात